# म्हायती तंत्रज्ञान

# गुंतवणूक धोरण

# 2015-20



# मजकूराचो तक्तो

व्याख्या....................3
प्रस्तावना....................5
दिश्टी....................5
हेतू....................5
मांडणी....................5
गोंय कित्याक?....................5
प्रलोभनां....................8
सक्षम समिती.................... 11
धोरण कालावधी/परिचालन कालावधी .................... 11

# व्याख्या

**(a) आयटी उद्देग:** विकास, उत्पादन आनी आयटी उत्पादना आनी आयटी सॉफ्टवेअरा संबंधीं सेवांक आस्पावन घेतलो.

**(b) आयटी सॉफ्टवेअर**: आयटी सॉफ्टवेअराची व्याख्या स्रोत संकेत वा वस्तु संकेत, मशिनांत वाचपा योग्य रूपांत आनी वापरप्यांक एकामेकांकडेन आदानप्रदान पुरोवंक नियंत्रीत जावंक समर्थ मुद्रण धरून सूचनांचे निवेदन, म्हायती, आवाज वा प्रतिमाचें सादरीकरण अशी केल्या.

.

**(c) म्हायती तंत्रज्ञान (आयटी)/म्हायती तंत्रज्ञानान सक्षम केल्ल्यो सेवा(आयटीईएस) :**
आयटी कंपन्यांनी आयटी सॉफ्टवेअराचो आस्पाव जाता; आयटी सेवा आनी आयटी सक्षम सेवांनी कॉल सेटर्स, मेडिकल ट्रांस्क्रिप्शन्स, बॅक ऑफीस ऑपरेशन्स/बिझिनेस प्रोसेस आवटसोर्सिंग(बीपीओ/नॉलेज प्रोसेस आवटसोर्सिंग(केपीओ), वेबसायट सर्व्हिस आनी डिव्हलपमेंट, एव्हीजीसी(ऍनिमेशन, व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमिंग आनी कॉमिक्स), आयटी सिस्टीम ऑडिट सर्व्हिसीस, लीगल डेटाबेज प्रोसेसिंग, बायोइन्फॉर्मेटिक्स, जातूंत वीमो, निवृत्ती वेतन वेवस्थापन आनी बाजार संबंधीत सेवा धरून आयटी एनेबल्ड बँकिंग, नॉन-बँकिंग सेवा, आयटी सोल्युशन प्रोव्हायडर/इम्प्लिमेंटर्स(जातूंत सर्व्हर डेटा बँक, एप्लिकेशन सर्व्हिस प्रोव्हायडर, इंटरनेट /वेब बेस्ड ई-कॉमर्स सर्व्हिस प्रोव्हायडर आनी सिस्टीम इंटिग्रेटर्स हांचो आस्पाव जाता)/व्हिज्युअल इफेक्ट्स/ डिजिटल इन्टरटेनमेंट आनी आयटी हांचो आस्पाव जाता.

**(d) राज्य** म्हळ्यार गोंय राज्य

**(e) आयटी पार्क:** सगळ्या रुपान आंखिल्ली वा आरक्षीत केल्ली आनी आयटी/आयटीईएस कार्यालयाची सुवात आनी बाकीच्या सुविधां वांगडा वेवस्थापीत आनी विकसीत केल्ली/ विकास करपाची आशिल्ली आनी थारायिल्ल्या नेम आनी अटीं प्रमाणें आयटी उद्देगाखातीर भाडेपट्टीचेर उपलब्ध करून दिल्ली सुवात/वांठार.

**(f) ईएसडीएम**: इलेक्ट्रॉनिक सिस्टीम आरेखन(डिझायन)आनी उत्पादन(मॅन्युफॅक्टरिंग)

**(g) ईएमसी:** भारतीय राजपत्राच्या कलम 1 भाग-1 त अधिसूचना नं. 252 ता. 22.10.12 प्रमाण अधिसूचीत केल्ली इलेक्ट्रॉनीक मॅन्युफॅक्चरिंग क्लस्टर येवजण. इलेक्ट्रॉनिक मॅन्युफॅक्चरिंग युनिटा वांगडा घालून दिल्ल्या नेम आनी अटीं प्रमाणें भाडेपट्टीचेर उपलब्ध करून दिल्ल्या सुविधां बरोबर वेवस्थापीत आनी विकसीत केल्ली/ विकासीत करपाची आशिल्ली सगळ्या रुपान आंखिल्ली वा आरक्षीत केल्ली आनी सुवात/वांठार.

**(h) परिचालनाची सुरवात:** ज्या दिसा कंपनीचे व्यापारी परिचालनाक सुरवात जाली ती तारीख म्हळ्यार आयटी/आयटीईएस/ईएमसी युनिटान न फुडें केल्ल्या पयल्या वेपारी विक्रेचें बील/ मोलासयत विकिल्ल्या वस्तूंचे वळेरे(इनव्हॉयस) ची तारीख.

**(i) गुंतवणुक क्षेत्रां:** आयटी/आयटीईएस/ईएमसी युनिंट बसोवचे खातीर अधिसूचीत केल्लें क्षेत्र

**(j) डीओआयटी:** म्हायती तंत्रज्ञान विभाग, गोंय सरकार.

**(k) डेयटी**: इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान विभाग, गोंय सरकार.

**(l) ऍप्लिकेशिन युनिट**: आयटी/आयटीईएस /ईएमसी युनिट /कंपनी गुंतवणूक क्षेत्रंनी गुंतवणूक करूंक सोदता.

**(m) रजिस्टर्ड युनिट:** उद्देग विभाग, गोंय सरकाराकडेन नोंदणी जाल्लें युनिट/कंपनी.

**(n) एलिजिबल युनिट**: नोंदणी जल्लें आयटी/आयटीईएस/ईएमसी युनिट.

**(o) एक्झिस्टिंग इस्टॅब्लिश्ड युनिट:** 3 वर्सांपरस चड काळ परिचालीत आसपी आयटी/आयटीईएस/ईएमसी युनिट

**(p) स्थानीक:**

i. गोंय राज्यांत जल्मल्ले मनीस वा

ii. राज्यांत 15 वा चड वर्सां राबितो करून आशिल्ले मनीस वा

iii. पालकां तलो एकलो तरी पालक गोंयात जल्मल्लो आशिल्ले मनीस वा

iv. सांगिल्ल्यो खंयच्योय अटी पुराय करपी मनशाचो जीणेचो जोडीदार वयल्या (i), (ii) आनी (iii) त.

**(q) आयपीबी:** .गोवा इन्व्हेस्टमेंट प्रमोशन आनी फॅसिलिटेशन बोर्ड, गोंय सरकार

**(r) स्टार्ट-अप आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनिट:**

i. ₹ 5 कोटीं परस उणो महसूल आशिल्लें युनिट आनी

ii. 30 वा उणे तांत्रीकी पात्रता उणी आशिल्ले कर्मचारी आशिल्लें युनिट.

**(s) स्थानीक आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनिट:**

i. कंपनींत स्थानीकांचें उणेंच 50% भागभांडवल आशिल्लें युनिट

**(t) आयटीआय**: उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था (इंडस्ट्रियल ट्रेनिंग इन्स्टिट्यूट)

**(u) बिट्स:** बिर्ला इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी ऍण्ड सायन्स.

**(v) निट:** नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टॅक्नोलॉजी.

**(w) आयआयटी:** इन्डियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टॅक्नोलॉजी.

**(x) प्रीमियम रेट:** उद्देगीक क्षेत्रा खातीर डीओआयटी न थारायिल्ली दर x दिवपाचे जमनीचें क्षेत्रफळ .

**(y) भाडेपट्टी दर( लीज रेंट):** दर वर्साच्या प्रीमियमाच्या 2%

**(z) सेल्फ कंझंप्शन**: एखाद्र्या कसलेय तरेच्या वीज ग्राहकाखातीर आपले वापराचे क्षमते नुसार आपले प्रणालीक वा वीज वाहक जाळयेक ( ग्रिडाक) आपल्या स्वताच्या वा ऑन -सायट वापारा खातीर फोटोव्हॉल्टेक सिस्टीम जोडपाची शक्यता आनी वापरूंक नाशिल्ली वीज ग्रीडांत भरून ताचें मोल घेवप.

# प्रस्तावना

गोंय हें म्हायती तंत्रज्ञान धरून समाजीक, अर्थीक आनी उद्देगीक मळार प्रभावी जैतां मेळयिल्लें अद्यावत, फुडलें पळोवपी राज्य. . गोंय सरकार सेवा वितरणां खातीर बरें शासना, निर्णय प्रक्रियेंत सहभागाखातीर नागरिकांक प्रोत्साहीत करूंक आनी शासकीय प्रणाली जनतेच्या मित्रत्वाची, पारदर्शी आनी जापसालदार करूंक म्हायती तंत्रज्ञानाचो प्रभावी आनी चडांत चड वापर करचे खातीर जागरूक आनी मनापसून बांधील आसा. ताचेय फुडें तें आयटी क चड प्रमाणांत राज्याच्या समजीक - अर्थीक विकास करूंक बळ दिवपी गुरुकिल्ली म्हण वळखता.

ह्या संदर्भात सरकार गोंयांत आयटी/आयटीईएस आनी ईएमएस त घटमुट तळ करपाचेर खास लक्ष दिवन आपली आयटी गुंतवणूक पॉलिसी उक्ती करता. ताचो मूलभूत प्रदूशण विरहीत सभाव, आकर्शक धोरणाचीं प्रोत्साहनां, शुध्द हवा, लोहमार्ग, आनी रस्त्यांची जोडणी हांचे खातीर गोंय हें आयटी उद्देगाखातीर एक आदर्श जालां. इंग्लीश उलोवपी साक्षर जनता फुडें राज्याचे दिश्टीक प्रोत्साहन दिवंक सोपें करतली.

# दिश्टी .

दिश्टी अशी ती म्हळ्यार गोंय राज्याक गुंतवणूकदारां खातीर चडांत चड पसंतीचें मुक्कामाचें ठिकाण करप. ताचे खातीर आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम क एक उत्पादन आनी रोजगार निर्मिती आस्पावन घेवपा कडेन व्हरपी वेवसायीक उद्देग करप.

# हेत

1. राज्यांत जागतीक दर्जाची आयटी साधन सुविधा निर्माण करप.
2. राज्याकडेन ऍंकर युनिट कशो उण्यांत उण्या 10 आघाडीच्या आयटी/आयटीईएस आनी 5 आघाडीच्या ईएमडीएस कंपन्यांक आकर्शीत करूंक
3. आयटी/आयटीईएस/ईएमसीं युनिटांतल्या 15,000 लागीं वेवसायिकांची प्रत्यक्ष आऩी अप्रत्यक्ष रोजगार प्राप्ती करून घेवप.
4. स्टार्ट- अप्स आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम स्पेसीक बळगें दिवप.
5. आयटी/आयटीईएस/ईएसएमडी च्या क्षेत्रांनी राज्यांतल्या तरनाट्यां खातीर प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार संदी चडांतचड करप.
6. अद्यावत, निवळ, पांचवेचार, पर्यावरण अनुकूल कामाचें वातावरण वाडीक लावप.

# मांडणी

a. राज्यांतल्या आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम क्षेत्रांत कंपन्यांक गुंतवणूक करूंक आकर्शक प्रलोभनां दिवप.
b. गतिमान, वेळा भितर, त्रास नासतनां मंजुरीची खात्री दिवप.
c. पर्यटन आनी मनोरंजनाच्या घटमूट तळा बरोबर गोंयां कडेन गिरेस्त अशीं संस्कृतायेचीं वैशिश्ट्यां आनी कलाकारीची परंपरा आशिल्ल्यान एव्हीजीसी उद्देगांक प्रोत्साहन दिवप.
d. उद्देगाखातीर तयार कुशल आनी तांत्रीक मनीसबळ निर्माण करप.

# गोंय कित्याक?

1. वैश्वीक सर्तीचे दरेन वीज आनी उदक उपलब्ध आसा.

2. जमीन

   ➢ आयटी/आयटीईएस आनी ईएसडीएम स्थापन करूंक जमीन आंखिल्ली आसा.

   ➢ प्रस्तावीत गुंतवणूक क्षेत्रांत मूळ साधन सुविधांची तरतूद देखीक अंतर्गत रस्ते,उदक आनी गटाराची जोडणी, वीजे खातीर उपकेंद्रा बी

3. उद्देग अनुकूल सरकार आनी शांतीपूर्ण समाज

   ➢ आयटी/आयटीईएस आनी ईएसडीएम खातीर सक्रीय आधार म्हळ्यार व्हड बळगें.

   ➢ हांगा राज्यांत बऱ्यांपैकीं पर्यावरण प्रणाली निर्माण करपी तरेतरेचे कारखाने आशिल्ल्यो 22 प्रस्थापीत उदैगीक वसणुको आनी उद्देगीक क्षेत्रां आसात.

   ➢ राज्यांत जकात आकारिल्लो ना.

4. . उत्तम जोडणी

   ➢ **रस्ते आनी लोहमार्ग:** गोयांत रस्त्यांची दाटी आसा. रा.म.मा.17 आनी कोंकण रेल्वे गोंयांक अस्तंत देगेवेल्या शारांक जोडटात. तें मुंबय,बँगलोर, हैद्राबाद, पुणें सारख्या मुखेल वेवसायीक केंद्रांक वायू, लोहमार्ग, रस्ते आनी समुद्रमार्गान जोडिल्लें आसा.

   ➢ **विमानतळ:** गोयांत सध्याक एक वेवहारांतलो विमानतळ दाबोळी हांगां आसा. थंयच्यान अंतर्गत आनी आंतर्राष्ट्रीय विमानां यो वच करतात. दुसरो आंतर्राष्ट्रीय विमानतळ उत्तर गोंयांत मोपा, पेडणें हांगा 2018-19 च्या सुमाराक सुरू जावपाचो आसा.

   ➢ **बंदर:** गोंयांक सुंदर वास्को शाराचे देगेन एक दर्याचें बंदर मार्मगोवा पोर्ट आशिल्ल्याचो आनीक एक फायदो आसा. तें एक भारतांतलें मुखेल आनी भरभराटीक आयिल्लें बंदर आसून मालाचे वाहतुकीक उत्तम दर्यांतलो मार्ग दिता.

   ➢ **ब्रॉड बँड जोडणी:** राज्यांत जागतीक दर्जाची फायबर ऑप्टीक ब्रॉड बँड नेटवर्क साधनसुविधा जाग्यार आसा. ब्रॉड बँड जोडणी 10 जीपी जोडणी राज्य मुख्यालया कडच्यान/जिल्हा मुख्यालया कडच्यान तालुका पातळी आनी 1जीबीपीएस जोडणी तालुका पातळी ते ग्रामपंचायत मेरेन आसा.

5. दर्जेदार मानव संसाधन राजधानी

   ➢ . राज्यांत इंग्लिशींतले सफाई सयत साक्षरता 88.7% आसा.

   ➢ राज्यांत कितलींशींच अभियांत्रिकी महाविद्यालयां आनी बिट्स गोवा, निट्स सारख्या प्रतिष्ठीत संस्था सयत राष्ट्रीय पातळेर नामना आनी वळख आशिल्लें तांत्रिक शिक्षण केंद्र आसा. जावपाचें आसा तें आयआयटी मानव संसाधनाचे प्रतिभेंत भर घालतलें. गोयांत 14 फिशालकाय वाडोवपी वेगवेगळ्या तरेची पदविका आनी आयटीआय अभ्यासक्रम दिवपी संस्थाय आसात .

6. हेर साधन सुविधा

   ➢ अत्याधुनिक भलायकी सुविधा बरोबर अत्युत्तम सामाजीक साधनसुविधा.

   ➢ गोंय वैश्वीक रितीन पर्यटन, मनोरंजन, कला आऩी संस्कृती उपक्रमां खातीर नामना आशिल्लें मुक्काम थळ श्रम-जिणेंचो एक अत्युत्तम समतोल दिता.

7. आकर्शक धोरण प्रलोभनां

- गुंतवणूकदारांक गोंयांक देशांतलें सगल्यांत चड आकर्शक गुंतवणूक थळ करूंक सक्षम करचे खातीर धोरणांत वेगवेगळीं प्रलोभनां आस्पावन घेतल्यांत.

## प्रलोभनां

## A. अधिसूचीत क्षेत्रांत काम करपी सगल्या युनिटांक लागू.

ह्या कलमाखाली उल्लेखीत प्रलोभनां गुंतवणूक क्षेत्रांत काम करतल्या सगल्या युनिटांक लागू जातलीं.

**1. मुद्रांक शुल्क सवलत**

a. सगलीं युनिटां जमीन/ कार्यालय इमारतीच्या मुद्रांक शुल्काचेर 100% सूट मेळोवंक शकतलीं.

**2. सीएसटी चेर विशेश सूट**

a. सगल्या युनिटांक सीएसटी चेर सुरू जायत साकून 5 वर्सांच्या कालावधी खातीर वा राज्यांत जीयेसटी लागू जाय मेरेन, जें पयलीं जाता तें, 100%परतफेड मेळोवंक शकतलीं.

**3. जकातीचो शून्य दर**

a. युनिटां कडल्यान घरगुती दरेंतल्यान सॉफ्टवेअर टॅक्नोलॉजी पार्क वा इलेक्ट्रॉनीक टॅक्नोलॉजी पार्कातल्या युनिटांत जाल्ल्या आंतर्वेवहार कराची शून्य दर.

**4. प्रवेश कराचेर लाव**

a. सगल्या युनिटां सुरू जाता ते तारखेच्यान वा जीएसटी लागू जाय मेरेन, जें पयलीं जाता तें, 5 वर्सांच्या कालावधी खातीर युनिटांक स्वता खातीर लागतल्या कच्च्या मालाच्या प्रवेश शुल्काचेर 100% अधित्याग घेवंक शकतलीं.

**5. जमीनी संबंधीं प्रलोभनां**

a. आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम खातीर राज्यान मूलभूत साधन सुविधा सयत जमीन थारावीत केल्या.

1. जमीन सवलतीच्या दरांत उपलब्ध आसतली. अधिसूचीत जागांनी स्थापन जाल्ल्या आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनिटां जर मान्यते उपरांत 3 वर्सांत थारावीक भांडवली गुंतवणूक केली जाल्यार 20% अतिरिक्त सूट मेळोवंक पात्र थारतलीं.

2. 30 वर्सां खातीर जमीन भाडेपट्टीचेर मेळटली आनी आपसांतल्यो नेम आनी अटी मान्य जाल्यो जाल्यार फुडलीं 30 वर्सां खातीर मेळूंक शकतली.

3. भाडेपट्टीचो दर पयल्या 5 वर्सां खातीर अधिदेयाचे रकमेच्या 2% आसतलो उपरांत दर 10 वर्सांनी 5% दरान वाडत वतलो.

**6. जमनीच्या उपेगांत सवलत**

a. अधिसूचीत आयटी पार्क/ईएमसींत उबारिल्ल्यो इमारती 2.00 च्या एफएआर क पात्र आसतल्यो.

**7. वीजे संबंधी प्रलोभनां**

a. . राज्य युनिटांक सकयलीं प्रलोभना प्रदान करतलें.

1. परिचालन सुरू जाल्ले तारखेक साकून 12 वर्सां मेरेन स्वता खातीर वापरिल्ले वीजेचें शुल्क भरूंक 100% अधित्याग.

2. सिंगल पॉयट दर्जेदार वीजेची पुरवण.

3. परिचालन सुरू जातकच चडांत चड दरेची कमाल मर्यादा ₹ 10 लाखांचे अटीचेर वेवहार सुरू जाले उपरांत आंतरीक अतिरिक्त वीज संयंत्र बसोवपाचेर भांडवली किंमतीच्या 30% परतफेड(एका वेळार).

4. ₹10 लाखांचे दरेचे कमाल मर्यादेंत वेवहार सुरू जाले उपारंत आंतरीक सौर ऊर्जा अतिरिक्त संयंत्र बसोवंक भांडवली किंमतीच्या 30% परतफेड(एका वेळार). .

**8. रोखड्याऱोखडी अनुमती यंत्रणा**

a. गुंतवणुके खातीर आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम कंपन्यांचे इन्व्हेस्टमेंट प्रमोशन बोर्डा(आयपीबा) कडल्यान मोलांकन जातलें जो सगळ्या प्रस्तावांचें एकाच जाग्यार (सिंगल विंडो) अनुमती बिंदू कशो वावुरतलो..

**9. दर्जो प्रमाणपत्रांचेर प्रलोभन**

a. (आयएसएस/आयएसओ 9000, आयएसओ 14000, आयएसओ 27001, बीएस 7799, एसईआय-सीएमएमआय प्रमाणपत्रां खातीर सगलो वास्तवीक अधिभार वा ₹ 3 लाखांची परतफेड जी कमी आसा. हें एकाच वेळचे प्रलोभन आनी युनिटांक परिचालन सुरू जाले उपरांत उपलब्ध जावंक शकता.

**10. स्थानीक रोजगाराक प्रोत्साहन दिवचे खातीर खास प्रलोभन-I**

a. **स्थानीकांक रोजगार दिवपी युनिटां खातीर**

प्रत्येक युनिटाक स्थानीक रोजगार निर्मिती करचे खातीर स्थानीक कर्मचाऱ्याक दिल्ल्या पगाराच्या 10 % च्या रुपांत खास प्रोत्साहन मेळटा. अट परिचालन सुरू जाले उपरांत 3 वर्सां खातीर वर्साक दरेची ₹ 80.00 लाखांची कमाल मर्यादा.

b. **स्थानिकां कडल्यान स्थापन जाल्ल्या युनीटां खातीर**

प्रत्येक स्थानीक युनिटाक स्थानिकां खातीर रोजगार निर्मती केल्ले खातीर स्थानीक कर्मचाऱ्याक फारीक केल्ल्या पगाराच्या 15% परतफेडीच्या रुपांत खास प्रोत्साहन मेळटलें. अट परिचालन सुरू जाले उपरांत तीन(3) वर्सां खातीर वर्साक ₹ 80.00 लाखांची कमाल मर्यादा. सूचना - युनिटांक कलम 10 त उल्लेख केल्लीं प्रोत्साहनां समवर्तीपणान घेवंक शकतात.

**11. स्थानीक रोजगाराक प्रोत्साहन दिवंक खास प्रोत्साहन - II**

a. सगलीं युनिटां जीं 3 वर्सांचें परिचालन पुराय करतात तांकां स्थानीक 100 मनशांचे पगारवाडीचे भरतेचेर ₹ 5 लाखां मेरेनचो प्रत्यक्ष लाव मेळटलो.

## B. स्टार्ट -अप्स खातीर प्रोत्साहन

सरकार स्टार्ट-अप कंपनींक आश्रय दिवंक इन्क्युबेशन सेंटरां उबीं करतलें. अशा इन्क्युबेशन सेंटरांतल्यान परिचालन करपी स्टार्ट -अप कंपन्यो सकयल दिल्ल्या प्रोत्साहनांक प्रत्यक्ष पणांन पात्र थारतल्यो.

a. सगलीं स्टार्ट-अप युनिटां 5 वर्सां मेरेन इन्क्युबेटशन सेंटरांतले भाडेपट्टीचेर अधित्याग घेवंक शकतलीं.

b. दर वर्सा चडांत चड कमाल दर मर्यादा ₹ 1 लाख आशिल्लीं सगलीं स्टार्ट-अप युनिटां इंटरनेट बँडविड्थ वापरा वयल्या अधिभारांत 5 वर्सां मेरेन अधित्याग मेळोवंक शकतलीं.

c. स्टार्ट अप युनिट एक वेळ ₹ 2 लाखांचो भांडवली निधी मेळोवंक शकतलें.

## C. राज्यांतल्या आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनिटां खातीर प्रोत्साहन

राज्याच्या अधिकारक्षेत्रांत वेवहार करपी सगल्या प्रस्थापीत युनिटांक ह्या कलमा खाला उल्लेख केल्लीं सगलीं प्रलोभना लागू जातात.

a. प्रस्थापीत आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम न ताच्या गोंयांत वेवहार करपी खंयच्याय युनिटा खातीर सरकाराक भाडेपट्टी/खरेदी खातीर फारीक केल्ल्या एकूण मुद्रांक शुल्काच्या 100% सूट. ही दरेची कमाल मर्यादा दर युनिटाफाटल्यान 2 लाख रुपया बरोबर एके फावटीची सवलत आसतली.

b. . 3 वर्सां गोंयांत परिचलन करपी आनी अधिसूचीत क्षेत्रांत आपलो परिचलन वाडोंवक पळवपी/ दुसरे कडेन हालोवंक पळोवपी प्रस्थापीत युनीटाक जमनीचे भाडेपट्टींत 50 % सवलत मेळटली. बाकीचे नेम आनी अटी तशोच आसतल्यो.

c. प्रत्येक प्रस्थापीत युनिटाक स्थानीक रोजगार निर्माण करतकच स्थानीक कर्मचाऱ्याक फारीक केल्ल्या पगाराचे 10% परतफेडीच्या रुपांत खास प्रोत्साहन मेळटलें. अट 3(तीन) वर्सां खातीर दरेची कमाल मर्यादा दर वर्सा ₹5 लाख आसतली .

**सूचना:**

- म्हायती तंत्रज्ञान विभाग, गोंय सरकार वा हेर खंयचेंय गोंय सरकाराचें मंडळ/विभागा कडेन 8 नोव्हेंबर, 2005 ते ह्या धोरणाची अधिसूचने मेरेन नोंदणी केल्ल्या प्रस्थापीत आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनीट ह्या कलमांत उल्लेख केल्ले लाव घेवंक पात्र आसतलें.
- जर प्रस्थापीत आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम युनीटां म्हायती तंत्रज्ञान विभागा भायर गोंय सरकारा कडेन नोंदणी जाल्यांत जाल्यार त्या युनिटांनी सक्तीन 31 मार्च 2916 मेरेन म्हायती तंत्रज्ञान विभागा कडेन नोंदणी करून घेवंक जाय. न करपी युनिटाक ह्या कलमा खाला मेळपी खंयचेच लाव मेळचे नात.
- अधिसूचने भायल्या क्षेत्रांत आशिल्लें युनिट खंयच्याय वेळार फक्त वयल्या प्रोत्साहनांक पात्र आसतलें.

## D. नव्या युनिटांक आनी स्टार्ट-अपां क आयटी एनीव्हेअर संकल्पने खाला प्रोत्साहन

ह्या कलमा खाला उल्लेख केल्लीं प्रोत्साहनां गोंय राज्यांत खंयय काम करपी (सरकारान सुरू केल्ल्या इन्क्युबेशन सेंटरांत काम करपी स्टार्ट -अप सोडून ) सगलीं नवी युनिटां आनी स्टार्ट-अप क लागू जातलीं.

a. गोंयांत वेवहार प्रस्थापीत करतनां युनिट/स्टार्ट-अप(आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम) न भाडेपट्टी/खरेदी खातीर सरकाराक फारीक केल्ल्या मुद्रांक शुल्कांत 100% सूट.

b. प्रत्येक युनिट/स्टार्ट-अप स्थानीक रोजगार निर्माण करतकच स्थानीक कर्मचाऱ्याक फारीक केल्ल्या पगाराच्या 10% परतफेडीच्या रुपांत खास प्रोत्साहनाक पात्र जातलें. अट तीन(3) वर्सां मेरेन दर वर्सा ₹ 3 लाख दरेची कमाल मर्यादा.

c. नव्या युनाटंक/स्टार्ट-अपांक दर युनिटाक /स्टार्ट-अपाक दरेचे ₹3लाख कमाल मर्यादेचे अटीचेर परिचालन सुरू जाल्ले तारखेन 5 वर्सां मेरेन स्वताच्या वापरा खातीरचें वीज शुल्क फारीक करपाचेर 100%अधित्याग.

d. परिचालन सुरू जाल्ले तारखेन पांच वर्सां खातीर दर वर्सा ₹1 लाख कमाल मर्यादा आशिल्ल्या इंटरनेटाच्या बँडविड्थाच्या वापराच्या अधिभराची परतफेड.

# सक्षम समिती

राज्य पातळेचेर मार्गदर्शन, आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम संस्थापनांक उत्तेजन दिवंक आनी देखरेख करूंक अनुदानाक मंजुरी खातीर एक सक्षम समिती (ईसी) घडोवप जातली.

समितींत सकयले सदस्य आसतले :

| | | |
|---|---|---|
| 1 | माननीय मुख्यमंत्री | अध्यक्ष |
| 2 | म्हायती तंत्रज्ञान चो माननीय मंत्री | सदस्य |
| 3 | अध्यक्ष(इंन्फो टॅक कोर्पोरिशन ऑफ गोवा लि.) | सदस्य |
| 4 | मुखेल सचीव | सदस्य |
| 5 | अर्थ सचीव | सदस्य |
| 6 | सचीव(म्हायती तंत्रज्ञान) | सदस्य |
| 7 | वेवस्थापकीय संचालक(इन्फो टॅक कोर्पोरिशन ऑफ गोवा लि.) | सदस्य |
| 8 | आयटी/आयटीईएस/ईएसडीएम उद्गांतले तीन तज्ञ गुंतवणुकीक उत्तेजन आनी गुंतवणुकीचेर सूचनां खातीर) | सदस्य |
| 9 | संचालक( म्हायती तंत्रज्ञान विभाग) | सदस्य सचीव |

POLICY PERIOD/OPERATIVE PERIOD This policy shall come into force with effect from the date of issuance of policy/date of notification and shall remain in force till 31st March 2020.